Akashwani Panaji National news 8.40 am 11th March 2026

मध्य उदेंतांतली  परिस्थिती पळोवन पेट्रोलियम उत्पादना आनी सैमीक वायूची नेमान उपलब्धताय, स्थिर पुरवण आनी समतोल वितरण सुनिश्चीत करपाहेतन केंद्र सरकारान  आपत्कालीन वस्तू कायदो, 1955 खाला आपत्कालीन अधिकारांचो उपेग केला. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण घरगुती पाइपलाइन   सैमीक वायू पुरवण, येरादारी खातीर सीएनजी, एलपीजी उत्पादन आनी सैमीक वायूची पुरवण करपाक हेर क्षेत्रांक प्राधान्य दिलां. देशाची उर्जा सुरक्षा राखपाखातीर सरकारान फावो ते उपाय केल्यात अशें भाजपा खासदार तेजस्वी सूर्य हांणी सांगलां.

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज केरळ आनी तमिळनादुचा दौर्यार आसतले.आयज दनपारां केरळांत  एर्नाकुलम हांगा सुमार 10 हजार 800 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून बुन्यादी फातर बसयतले . हे कार्यावळी वेळार ते सभागारांत उलोवप  करतले. तमिळनाडूंत प्रधानमंत्री तिरुचिरापल्लींत सुमार 5 हजार 650 कोटी रुपयाचे प्रकल्प सुरू करतले. ह्या प्रकल्पांत पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मुळावी बांदावळ, ग्रामीण जोडणी आनी म्हामार्ग उदरगत अशा मुखेल क्षेत्रांचो आस्पाव जाता. तशेंच प्रधानमंत्री पांच नव्या रेल्वे पांचवो बावतो दाखयतले आनी ह्या निमतान एका उलोवप करतले . रेल्वे सेवेंत  दोन अमृत भारत एक्सप्रेस ,दोन एक्सप्रेस गाडयो आनी एक प्रवासी रेल्वे सेवा आसपावीत आसात.Nagercoil-Charlapalli अमृत भारत एक्सप्रेस दक्षिण तमिळनाडू आनी तेलंगना हांचे मदली संपर्क सुदारतली आनी तेच बरोबर तमिळनाडू आनी आंध्र प्रदेशांतल्या जायत्या जिल्हयांक सेवा दितली. Podanur-Dhanbad अमृत भारत एक्सप्रेसा वरवीं दक्षिण भारत आनी उदेंत भारतांतल्या खनिज आनी उद्देगीक पट्ट्या मदीं रेल्वे संपर्क घटमूट जातले. ह्या शिवाय तीन रेल्वे सेवा सुरु जातल्यो त्यो म्हळयार -रामेश्वरम-

मंगळुरू एक्सप्रेस,Tirunelveli-मंगळुरू एक्सप्रेस आनी Mayiladuthurai-Thiruvarur-Karaikkudi प्रवासी रेल्वे. ह्या रेल्वे सेवा वरवीं ह्या वाठारांत रेल्वे जोडणी वाडटलीच पूण प्रादेशिक अर्थीक वाडीकय आदार मेळटलो .

Mission

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या अध्यक्षते खाला केंद्रीय मंत्रीमंडळान सुमार 8.70 लाख कोटी रुपया वाडोवन जल जीवन मिशन डिसेंबर 2028 मेरेन वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी, जल जीवन मिशनाची अंमलबजावणी मुळावी बांदावळ तयार करपा सावन सेवा दिवपा मेरेनची पुनर्रचना करपा खातीर जल शक्ति मंत्रालयाच्या प्रस्तावाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. भारता कडेन शिमो वांटून घेवपी देशांतल्या गुंतवणुकीं विशीं मार्गदर्शक तत्वांत बदल करपाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. हाका लागून जागतीक निधींतल्यान परकी गुंतवणूक स्टार्टअप आनी तंत्रगिन्यानाच्या क्षेत्रांत आकर्शीत जातली. वैष्णव हांणी तमिळनाडूंतलो मदुराय विमानतळ आंतरराष्ट्रीय विमानतळ जाहीर करपाच्या प्रस्तावाकय मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या अशे सांगले .

petrol

देशांतल्या घरगुती गिरायकांक उर्जेचो उणाव ना अशें सरकारान आश्वासन दिलां. देशांतल्या घरगुती गिरायकांक परवडपी उर्जेची पुरवण सुनिश्चीत करपाक सरकार कटिबद्ध आसा अशे सांगला . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी भारताची उर्जा आयात वेगवेगळ्या स्त्रोतां वयल्यान आनी मार्गांतल्यान चालूच आसा अशें स्पष्ट केलां. मजगतीं तेल कंपन्यांनी देशांत एलपीजी उत्पादन वाडयलां.

jaishankar

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा संबंदी ताज्या घडणुकां विशीं विदेश वेव्हार dr मंत्री एस जयशंकर हांणी काल सांजवेळा इराणाचे विदेश वेव्हार मंत्री सैयद अब्बास Araghchi हांचे कडेन सविस्तर संवाद सादलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ जयशंकर हांणी संपर्कांत रावपाक मान्यताय दिल्या अशें सांगलां. फाटल्या म्हयन्यांत इराण आनी अमेरिकेच्या इझ्राएलाच्या संयुक्त सैन्या मर्दी संघर्श सुरू जाले उपरांत तांचो हो तिसरो संवाद आशिल्लो.तशेंच मंत्री जयशंकर हांणी आपले जर्मन समकक्ष जोहान वाडेफुल आनी दक्षिण कोरियाचे विदेश वेव्हार मंत्री Cho Hyun हांचे कडेन उलोवन अस्तंत आशियांतल्या परिस्थितीचेर भासाभास केली. संवसारीक सुरक्षा आनी अर्थवेवस्थेचेर व्हड परिणाम जावपी अस्तंत आशियांतल्या परिस्थितीचेर चर्चा केल्या आनी परिस्थिती वाडत वता तशी भारतीय आनी दक्षिण कोरियाच्या नागरिकांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर उपायांचेर संवाद दवरपाचें मान्य केलां अशें चो ह्यून हांणी सोशल मिडियाचेर सांगलें.

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज नवी दिल्लींत आहार आंतरराष्ट्रीय अन्न आनी आदरातिथ्य टी मेळाव्याच्या 40व्या आवृत्तीचें उक्तावण केलें. हेवरवी भारताक मुक्त वेपार कबलातीतल्यान मेळपी संदिचो लाव जातलो असो विस्वास ताणी उक्तायलो. Bytes२४ sec अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय आनी भारतीय वाणिज्य आनी उद्देग मंडळाच्या जोड्पाल्वान हो मेळावो घडोवन हाडटा.

Joshi

नव्या आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगलें, फाटल्या दशकांत देशांतली वीज क्षमता बिगर जीवाश्म स्त्रोतां कडल्यान एक्यायशी गीगावॅट वयल्यान सुमार दोनशे पंचात्तर गीगावॅट मेरेन वाडल्या अशे सांगले. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या चवथ्या राष्ट्रीय कृशी RE शिखर सभेंत मंत्री जोशी हाणी , सौर

शिंपणावळ भारताच्या शेतकी आनी उर्जा क्षेत्रांत बदल घडोवन हाडपाची तांक आसा अशे सांगले. ह्या तंत्रज्ञानाक लागून शाश्वत  शेती करपाक आदार मेळता, तेच बरोबर देशाची नवीकरणीय उर्जेची क्षमताय वाडोवंक मेळटली अशें तांणी सांगलें.शेतकी आनी घरगुती क्षेत्रांत सौर उर्जा वाडोवपाचो हेतू आशिल्ल्या सरकारी येवजण्यांचेर भर दिवन मंत्री जोशी हाणी , पीएम-कुसुम येवजणे खाला 10 लाखां परस चड स्वतंत्र सौर शेतकी पंप स्थापन केल्यात, जाल्यार 13 वयर लाखांनी ग्रिडाक जोडिल्ल्या पंपांक देशभर सौर उर्जा स्तोत्र दिला. पीएम सूर्य घर: मुफ्त बिजली येवजणे खाला छप्पराचेर सौर स्थापणूक केल्ल्यान 31 लाखां वयर घरांक फायदो जाला अशे तांणी मुखार कळयलें . पिकां वांगडा सौर पॅनल लावपाक चालना दिवपा खातीर सरकार पीएम-कुसुम 2.0चालिक लायता. तातूंत 10 गीगावॅट एग्री-पीव्ही घटक आसपावीत करतले अशें मंत्री जोशी  हांणी स्पष्ट केलें. उर्जा आनी पर्यावरण अहवाला प्रमाण भारत 2040 मेरेन हेर विकसीत देशांची उर्जेची मागणी पुराय करूंक  शकता.

Trump

होर्मुझ strataतात्ल्यान  इराणी कारवाय जाल्ल्याची खबर आयले उपरांत अमेरिकेच्या लश्करान आयज इराणी खण घालपी 10 निश्क्रीय जहाज पुरायपणान नश्ट केल्यात अशें अमेरिकेचे  राष्ट्राध्यक्ष  डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें. संवसारांतलो एक म्हत्वाचो उर्जा मार्ग आशिल्ल्या रणनितीच्या उदकामार्गाचेर इराण खणपाचो यत्न करपाक शकता असो हुस्को वाडत आशिल्ल्यान ट्रम्प हाणी दावो केला.मजगतीं, अमेरिकेच्या लश्करी सैन्यान इराणा आड कारवाय सुरू जाले उपरांत सुमार 140 सैन्य जखमी जाल्ल्याचें अमेरिकेन सांगलें. आयज पॅन्टागनाचे प्रवक्ते Sean Parnell हांणी  आठ सैनिक गंभीर जखमी जाल्यात अशें सांगलें .

Shg

ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान आयज राष्ट्रपती भवनांत आदिवासी समाजांतल्या आनी खासा आदिवासी गटांतल्या आप मजत गटच्याshg बायलां वांगड्यांक अमृत उद्यानात खाशेली भेट घडोवन हाडली.

imd

भारतीय हवामान खात्यान गुजरातांत उश्णतायेचा ल्हारांचो अदमास उक्तायला . कोंकण, गोंय, विदर्भा आनी अस्तंत राजस्थानात अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.

sports

एफआयएच बायलां हॉकी विश्व करंड सर्तींत आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर क्वालिफायर माचीत आयज हैदराबादांत भारताची निमाणी पूल बी मॅच वेल्स आड जातली.